**प्रधानमंत्री आवास येवजणेखाला उत्कृश्ट घरबांदणी करपी लावधारकांचो भोवमान**

ता. 30 डिसेंबर 2020

केंद्रीय घरबांदणी आनी शारी वेव्हार मंत्रालयांन 2015 वर्सा देशांतल्या शारी वाठारांखातीर प्रधानमंत्री आवास येवजण - सगळ्यां खातीर घरां ही मोहिम चालीक लायल्या आनी 2015 ते 2022 मेरेन ह्या येवजणेची अंमलबजावणी करपात येतली. ह्या येवजणेखाला सगळ्यां पात्र कुटुंबांक/लावधारकांक घरां उपलब्ध करपा खातीर अंमलबजावणी यंत्रणांक राज्यां आनी संघप्रदेशां मार्फत केंद्रीय अर्थिक मदत दिवपात येता.

गोंयच्या सगळ्यां 14 शारी वाठारांत प्रधानमंत्री आवास येवजण - सगळ्यां खातीर घरां ह्या मोहिमेची अंमलबजावणी गोंय राज्य शारी विकास एजन्सी वतीन करपात येता. सरकारान शारी आनी पर्यावरणीय अभ्यास विभागीय केंद्र, हैदराबाद ह्या संस्थेमार्फत सर्वेक्षण करून गोंय राज्यांच्या शारी वाठारांतल्या घरांच्या गरजेचो अहवाल तयार केला.

ह्या येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर उत्कृश्ट योगदान दिवपी राज्यांची दखल घेवपा खातीर मंत्रालयावतीन वर्सुकीं पुरस्कार भेटोवपात येता. मुखेल राज्यां, उत्तर-पुर्व आनी दोंगराळ राज्यां, नगरपालिका म्हामंडळां, नगर पंचायत, हेर खास वर्गात अशें पुरस्कांर दितात. तशेंच उत्कृश्ट घर बांदणी वर्गात प्रत्येक राज्य/संघप्रदेशांतल्यान लावघारकांची निवड करून भोवमान करतात. उत्कृश्ट घर बांदणी वर्गात गोंय राज्यांतल्यान कु. आयवी कार्दोझ हांची निवड जाल्या. 1 जानेवारी 2021 दिसा केंद्रीय घरबांदणी आनी शारी वेव्हार मंत्रालयांच्या सचिवाकडल्यान तांचो व्हिडिओ कॉन्फरंसींग माध्यमावरवीं भोवमान जातलो. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचे हस्तुकीं पुरस्कार वितरण सुवाळ्याचे उक्तावण जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/769

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa